**मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं**

ता. 29 मे 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, 30 मे हो गोंयच्या इतिहासातलो म्हत्वाचो दीस. 1987 वर्सा ह्याच दिसा गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो आनी गोंय हे भारत देशाचे 25 राज्य जाले. घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळे उपरांत गोंयच्या लोकांक आपल्या राज्याचो कारभार चलोवपाचो अधिकार फोवो जालो आनी आयज गोंयांन सामाजिक, आर्थिक आनी सांस्कृतिक मळार भरीव प्रगती केल्ली आसा.

सध्याच्या कोवीड-19 महामारीच्या संकश्टाच्या काळात गोंयात कोरोना दुयेंसाचो संसर्ग पातळचो न्हय म्हुण सरकारान अनेक उपाय घेतल्यात. भलायकी सुविधांनी आवश्यक सुदारणा करपा वांगडाच ह्या दुयेंसाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर सगळीं सरकारी यंत्रणां बरे तरेन काम करतात.

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA